**मुख्यमंत्र्यान** बांबोळीच्या **विक्रेत्यांक गाड्यांचे वाटप केले**

**ता. 26 सप्टेंबर 2022**

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात बांबोळी हांगाच्या विक्रेत्यांक गाडे वाटप केले. मुख्यमंत्र्यान लाभार्थ्यीं विक्रेत्यांक गाड्यांचो ताबो दितना सांगलें, की सरकाराक ल्हान-व्हड वेवसाय करून आपले कुटुंब चलोवपी लोकांची काळजी आसा आनी त्या खातीरच तांचे पुनर्वसन करपाचे सरकारान थारायले.

पुनर्वसन केल्ले विक्रेतें खुप काळासावन गोंय वैजकी महाविद्यालया भायर आपलो वेवसाय करताले. ह्या विक्रेत्यांचे नवीन जागेत पुनर्वसन केल्ल्यान गोंय वैजकी महाविद्यालयाच्या प्रवेशदारामूखार गर्दी जावची ना आनी एम्बुलन्स सेवेक अडथळो येवचो ना, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गाड्यांचे वाटप पारदर्शक पद्धतीन जाल्ले आसून विक्रेत्यांक विस्वासात घेवन गाड्यांचे भाडे थारायला. उरिल्ल्या पात्र विक्रेत्यांचे पुनर्वसन दुसऱ्या टप्प्यात करतले, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या कार्यक्रमाक भौशीक बांदकाम मंत्री श्री नीलेश काब्राल, सांताक्रूजचे आमदार श्री रुडोल्फ फर्नांडिस, उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी श्रीमती मामू हागे, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-II श्री केदार नाईक, तिसवाडीचे उपजिल्हाधिकारी श्री राजेश आजगांवकर आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/579

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji